## स्टार्ट-अप मळार गोंय आपले योग्य स्थान निर्माण करपाक शकता-श्री.खंवटे

ता. 30 ऑगस्ट 2018

8 श्रावण 1940

तंत्रज्ञानाच्या मळार जसो नेटान बदल जाता, ते प्रमाण आमी प्रत्येक वेवसायात कुशळताय मेळोवपाची गरज आसा. आयज तुमी जीणेच्या ज्या टप्प्यार आसात जंय आकर्शण आनी गोंदळ तुमच्या अभ्यासक्रमाचो भाग जाल्लो आसा. तरी आसतना योग्य निर्णय घेवन आपल्या कुशळतायेची निवड करपाची ही वेळ आसा, अशें माहिती तंत्रज्ञानमंत्री श्री. रोहन खंवटे हांणी फर्मागुडी हांगाच्या गोंय अभियांत्रिकी महाविद्यालयाच्या माहिती तंत्रज्ञान विभाग विद्यार्थी मंडळाच्या उक्तावण कार्यक्रमात उलयतना सांगले.

गोंय अभियांत्रिकी महाविद्यालयाचे प्राचार्य डॉ.व्ही.एन.शेट, शाखा सल्लागार प्रो. गणेश मणेरकर, माहिती तंत्रज्ञान विभागाचे मुखेली डॉ. निलेश फळदेसाय, मुखेल उलोवपी श्री. सिध्देश कुराडे, इंटेन्साचे अध्यक्ष श्री. प्रितम बांबोळकार आनी सचिव श्री. जोशुआ ग्रासीयस हया वेळार हजर आशिल्ले.

फुडें उलयताना श्री. खंवटे हांणी प्रत्येकामदी नेतृत्व गुण आसपाची गरज उक्तायली. नेतृत्व गुणाक प्रोत्साहन दिवप आनी अशा गुणांची दखल घेवपाची गरज आसा. आयज आमी डिजिटल युगांत वावरतना मनशाक एक उद्देजक करपाक आनी शिक्षण आनी उद्देगाची सांगड घालपा बाबतीत सरकारामुखार एक मोठे आव्हान आसा. आयज संधी खुप आसात पूण आमी आधुनिक तंत्रज्ञान अवगत करून हयो संधी हातासपाक जाय. आमी जीआयए प्लॅटफॉर्म, ब्लॉकचेन, डाटा ॲनालीस्ट, रोबोटिक्स अशें तंत्रज्ञान स्वीकारून संधीचो फायदो घेवप जाय अशें तांणी सांगले.

गोंय स्टार्ट-अप मळार आपले योग्य स्थान निर्माण करपाक शकता. आशियातल्या उत्कृश्ट 25 स्टार्ट-अप मदी स्थान मेळोवपाक सरकारचे यत्न आसात. पात्रतायेक मर्यादा ना आनी ते खातीर स्टार्ट-अप वा नव्य संकल्पनाक भरपूर वाव आसा, अशेंय श्री. खंवटे हांणी सांगले.

सध्या आमी खण आनी पर्यटन वेवसायापासून पर्यटन आनी माहिती तंत्रज्ञान वेवसाय क्षेत्राकडेन वळपाक लागल्यात. पर्यटन आनी तंत्रज्ञान वेवसायातल्यान आमची अर्थवेवस्था मजबूत करपाचे यत्न आसा. सरकारान ते खातीर अनेक साधनसुविधा निर्माण करपाचेर भर दिला आनी तुमी हया साधनसुविधांचो लाव करसो घेवपक हे जाणून घेवपाक जाय अशेंय ताणी म्हणले.

हया वेळार मंत्र्याहस्तूकीं नव्या विद्यार्थी मंडळाच्या वांगडयांक बॅजीस भेटयले. श्री. बांबोळकर हांणी मंडळाच्या वांगडयाक सोपूत दिलो.

कार्यक्रमाच्या सुरवेक श्री. फळदेसाय हांणी मानेस्तांक येवकार दिलो. श्री. मणेरकर हांणी निमणे उपकार मानले.

कु. मिनल आनी दिलोरा हांणी कार्यक्रमाचे सूत्रसंचालन केले.